भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# एक आवडीचो पूत गुलाम जालो



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Byron Unger; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- M. Kerr; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

इसहाक खूब खोशी जालो. ताचो पूत जाकोब घरा आयिल्लो. एसावन लेगीत भावाक येवकार दिलो, जाका एक फावट मारपाची प्रतिज्ञा ताणें केल्ली. पूण जाकोबाचे पूत खोशी जाले नात कारण तांचो धाकटो भाव जोसेफ, बापायचो आवडीचो आसलो.



जोसेफाच्या भावांक तो आपलीं सपनां सांगतना चड राग आयलो, “म्हज्या धान्याचो गुच्छ उंच उबो रावलो आनी म्हज्या भावांचीं गुच्छां मानान नमस्कार करतालीं,” जोसेफान सांगलें. ह्या सपनाचो अर्थ जोसेफ आपल्या भावां परस चड म्हत्वाचो जातलो.



जोसेफाच्या दुसऱ्या
सपनांत सुर्या, चंद्र
आनी नखेत्रां ताका
नमस्कार करताली.
ताचो बापूय जाकोब
लेगीत आवय-बापाय
आनी भावां वयर
आपल्याक दवरल्ल्यान
ताचेर रागार जालो.



एक दीस जाकोबान जोसेफाक शेतांत धाडलो. जंय ताचे भाव आपले कळप सांबाळटाले. ताच्या भावांनी ताका येताना पळेलो. “ह्या सपनांतल्या मनशाक मारूंया,” तांणी गुंगयलें. जोसेफाक ताचे मुखार वायट आशिल्ले खबर नाशिल्ले.



रूबेन, व्हडलो भाव ताका मान्य नाशिल्लो. “आमी रगत व्हांवचें न्हय” अशें ताणें सांगलें. “पळे, हांगासर एक खड्डो आसा. ताका थंयच मरूं!” रूबेनान रातच्या वेळार जोसेफाक सोडवपाची येवजण
आंखली.



जोसेफ पावलो
तेन्ना, ताच्या
भावांनी ताका
धरलो, आनी
जाकोबान आपल्या
आवडीच्या पुता
खातीर खास करून
तयार केल्लो रंगीत
कोट काडलो.
मागीर तांणी ताका
भयानक खड्ड्यांत
उडयलो.



रूबेन नासतना, पयसुल्ल्या इजिप्तांत वतना उंटांचो एक काफिली लागीं पावलो. “जोसेफाक विकूंया,” रडलो जुदा, ताचो भाव. तांणी जोसेफाक वीस रुप्याच्या कुडक्यांनी विकलो.





दुकानी आनी भियेल्लो, जोसेफ असहाय्यपणान पळयत रावलो, वळवळपी उंट ताका आपल्या कुटमा आनी मायभूंय थावन पयस व्हरतालो.





“हो जोसेफाचो कोट?
रगत आसा. आमकां तो
वाळवंटात मेळ्ळो.”
वायट भावांनी
जाकोबाक ताच्या
आवडीच्या पुताक एका
रानवटी जनावरान
मारला अशें सांगलें.
जाकोबान ताचे कपडे
फाडले आनी शोक केलो.
कोणूच ताका सांत्वन
दिवंक शकलो ना.



इजिप्तांत जोसेफ भियेल्लो आनी एकटोच आशिल्लो आसूंक जाय. घडये ताका घराची तळमळ आशिल्ली. पूण ताका सुटका मेळ्ळी ना. तो पोतीफराच्या घरांत गुलाम आशिल्लो, एक म्हत्वाचो इजिप्तांतलो. पोतीफाराक दिसलें की जोसेफ सदांच कश्ट करतालो आनी ताचेर विस्वास दवरूं येता.

“तुमी करतात तें सगळें बरें जाता,” पोतीफारान एक दीस जोसेफाक सांगलें. “देव तुज्या वांगडा आसा. म्हाका तुका म्हजो मुखेल नोकर जावंक जाय, म्हज्या सगळ्या वेवसायाचेर आनी म्हज्या हेर सगळ्या नोकरांचो स्वामी जावंक जाय.”



देवान जोसेफाक लागून
पोतीफाराक बरी पिकावळ
आनी जायतीं गिरेस्तकाय
दिली. आतां एक म्हत्वाचो
मनीस, जोसेफ अजूनय देवाचेर
विस्वास दवरतालो आनी
विस्वासपणान सेवा करतालो.
पूण जोसेफाक त्रास जालो.



पोतीफराची बायल एक वायट बायल आशिल्ली. तिणें जोसेफाक आपल्या घोवाची सुवात घेवंक सांगलें.
जोसेफान न्हयकार दिलो.
तो पोतीफराचेर अन्याय करून देवा आड पातक करचो ना.



जेन्ना त्या बायलेन ताचेर जबरदस्ती करपाचो यतन केलो, तेन्ना तो धांवलो. पूण तिणें ताचो कोट धरलो.



“तुज्या गुलामान म्हाका हल्लो केलो,” पोतीफराचे बायलेन कागाळ केलो “पळय, हांगा ताचो कोट.” पोतीफाराक राग आयलो. घडये ताका खबर आसली ताची बायल फट उलयता.

पूण ताका कितें तरी करचें पडलें. तो कितें करतलो?



पोतीफारान जोसेफाक बंदखणींत घालो. तो निरपराधी आसलो, तरी जोसेफ कडू वा ताका राग आयलो ना. घडये तो आपल्या कश्टांतल्यान शिकतालो की तो खंय आसलो तरी, देवाचो मान केलो जाल्यार देव ताका मान दितलो – बंदखणींत लेगीत.



एक आवडीचो पूत गुलाम जालो

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

उत्पत्ती ३७, उत्पत्ती ३९

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16